**केंद्रीय गृहमंत्री फाल्या गोंयांत**

ता. 13 ऑक्टोबर 2021

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री श्री. अमीत शाह फाल्या ता. 14 ऑक्टोबर 2021 दिसा गोंय भेटेर येतले. तांचे वांगडा केंद्रीय गृह सचीव श्री. अजय कुमार भल्ला, गृह वेव्हार मंत्रालयाच्यो अतिरिक्त सचीव पुनियासलीला श्रीवास्तव, केंद्रीय गृह मंत्र्यांचे पीएस श्री. साकेतकुमार, संदीप राणा, केंद्रीय गृह मंत्र्यांचे कार्यकारी अधिकारी श्री. संदीप राणा, पीएसओ श्री. सागरप्रताप कौशीक, डॉ. अरूण प्रताप सिंग आनी हेर मानेस्त आसतले.

केंद्रीय गृह मंत्री श्री. शाह धारबांदोडा हांगा नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्स विद्यापिठाचे भुमिपूजन करतले तशेंच सभेक संबोदीत करतले. उपरांत ते कुर्टी-फोंडे हांगा एनएफएसयु खातीरच्या ट्रान्जिट कॅम्पस  इमारतीचे उक्तावण करतले.

फाल्या 14 ऑक्टोबराक सांजेच्या 5.15 वरांचेर ते ताळगांवा समाज सभाघरात बसकेक हजर रावतले. ता. 15 ऑक्टोबर दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर राज्य सरकारावांगडा बसका घेतले आनी दनपारां 12.30 वरांचेर दिल्ली वचपाक भायर सरतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/857

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji